०६.०८.२०२५ सकाळी 7:25. वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र, प्रादेशिक खबरा विभाग

प्रादेशिक खबरो

- रान हक्क कायदयारवी ज्या गोंयकारांक जमनिच्यो सनद दिवपाच्यो उरल्यातं तांका मार्च २०२६ मेरेन दिवपाची मोख राज्य सराकरान दवरला. सध्याक राज्यातल्यान १० हजार नागरीकांनी अशा सनदी खातीर अर्ज केल्ले. हांतुल्लया ३ हजार लोकाक सनदी दिल्यात . जाल्यार सुमार १ हजार जणांचे अर्ज भायर पडल्यात. मार्च २०२६ मेरेन राज्यातल्यो श्य सगळे अर्ज निकालात काडटले अश म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. Byte फॉरेस्ट

  आदिवासी समजाच्या उदरगतीखातीर tribal sub plan वरवी आशिल्लया ६९ कोटी रुपया उपेग सरकारान केल्लो ना, हांका लागुन गरज आसुन लेगीत आदिवासी समाजाच्या उदरगतीची कामा अडकुन उरल्यात असो आरोप आमदार विरेश बोरकार हांणी केला. जाल्यार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी ८२ टक्के निधीचो उपेग केला अशे म्हणला.

- लोकसभेन आयज गोंय राज्य विधानसभा मतदारसंघांतल्या अनुसुचीत जमातींच्या प्रतिनिधीत्वाचे पुनरसमायोजन विधेयक, 2024 संमत केले.अनुसुचीत जमातीच्या सदस्यांच्या प्रभावी लोकशाही सहभागा खातीर सुवातीचे आरक्षण सक्षम करप आनी गोंय राज्य विधानसभेतल्या जाग्यांचें पुनरसमायोजन करपाची तजवीज करप हो विधेयकाचो हेत आसा. ह्या चर्चेक जाप दितना केंद्रीय कायदो आनी न्याय मंत्री अर्जुन राम मेघवाल हांणी सांगलें, कि अनुसुचीत जमातींक गोंय विधानसभेंत तांचें प्रतिनिधित्व सुनिश्चीत करपा खातीर आरक्षण दिवपाच्या हेतान हें विधेयक हाडलां. राज्यांतल्या अनुसुचीत जमातींची लोकसंख्या 2001 वर्सा पाचशे सासठ आशिल्ली ती एक लाख एकूण पन्नास हजारां परस चड जाल्या अशें तांणी सांगलें. पयलीं फकत अनुसुचीत जातीं खातीर आरक्षणाची तजवीज आशिल्ली पूण अनुसुचीत जमाती समाजाची लोकसंख्या वाडत गेल्यान राज्य

विधानसभेंत अनुसुचीत जमातींक आरक्षण दिवप गरजेचें आसा अशें मेघवाल हांणी सांगलें.

- गोंयचे तशेच जम्मू आणि काश्मीरचे आदले  राज्यपाल सत्यपाल मलिक आयज संवसाराक अंतरले. तांची पिराय 79 वरसा आशिल्ली.दिल्लीतल्या राम मनोहर लोहिया हॉस्पिटलांत ताणी निमणो श्वास घेतलो.
- मनोहर परिकर विमानतळचेर आशिली चडशी दुकाना बिगर गोयकराची कित्याक असो प्रश्न विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हानी केलो  आणि हे विशी मुखेलमंत्र्याकडे जाप मांगली. byte युरी
- वीस परस चड कर्मचारी आशिल्ली दुकानां, हॉटेलां तशेच हेर वेवसायीक आस्थापनाक कर्मचाऱ्यांची म्हायती ऑनलायन पद्दतीन ६० दिसां भीतर दिवप बंदनकारक आसा. तशेच दुकान, हॉटेल बंद केले जाल्यार ताची म्हायती सरकाराक कळोवप बंधनकारक आसपाची तजवीज आशिल्ले गोंय दुकान, आस्थापन नेमन विधेयक सभाघरात सादर जालें.
- उद्येजक तशेच वेपाऱ्यांक आता सादनसुविदा शुल्क दोन पावंड्यान फारीक करपाची मेकळीक आसतली. प्रकल्प वा वेवसायाक तांत्रीक परवानो दिले उपरांत शुल्काची ५० टक्के रक्कम फारीक करची पडटली. उरिल्ली ५० टक्के रक्कम प्रकल्प पुराय जाल्याचो (कप्लीशन सर्टीफीकेट) दाखलो दिल्या उपरांत भरपाची पडटली.
- तिसवाडी तालुका बुद्धिबळ संघटनेची श्रीपाद आणि अनुसूया कामत तारकार यादस्तिक राज्य पवड्यावेळी बायला बुद्धिबळ सरत निवड चाचणी 8 ते 10 ऑगस्ट मजगती कुजिरा बामबोली जातली
- पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडलया काय दिस काय वाठरांनी व्हडा  प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला